गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी–गोंय

पत्रक

**महात्मा गांधी जयंती निमतान महाविद्यालयीन**

**पातळीचेर प्रस्नोत्तरी सर्त**

ता.२० ऑगस्ट २०१९
२९ श्रावण १९४१

गोंय सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन महात्मा गांधीजींच्या **१५०**व्या जयंती वर्सा निमतान ता. **२६** ऑगस्ट **२०१९** दिसा राज्य पातळीचेर महाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांखातीर प्रस्नोत्तरी सर्त आयोजीत करपात येतली.

गोंयातल्या सगळ्यां पदवी महाविद्यालय विद्यार्थ्यांखातीर सर्तीचो विशय महात्मा गांधी– मोहनदास ते महात्मा मेरेनचो प्रवास असो आसा आनी सर्त ता. **२६** ऑगस्ट **२०१९** दिसा दनपरां **२.००** ते सांजेची **६.००** मेरेन पणजेच्या मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरात जातली.

ही सर्त सरकारावतीन **२** ऑक्टोबर **२०१८** ते **२** ऑक्टोबर **२०१८** मेरेन मनोवपात येवपी महात्मा गांधीजीच्या **१५०** व्या जयंती कार्यक्रमाचो एक भाग आसा.

ही सर्त मुळावी आनी अंतीम फेरी अशा दोन टप्प्यांनी आयोजीत करतले. प्रत्येक पंगडात दोन विद्यार्थी आसतले. महाविद्यालय कमीत कमी दोन पंगड सर्तीखातीर धाडूक शकता. अंतीम फेरयेत पयल्या पाच वंगडांक प्रवेश दितले.

सर्तीच्या जैतवंताक रू. **१०,०००**/–, रू. **७,०००**/–, रू. **५,०००**/– अशें अनुक्रमे पयले, दुसरे आनी तिसरे रोख इनाम आनी चषक भेटयतले. तशेंच दोन उमेद वाडोवपी इनामां दितले. इत्सुक विद्यार्थानी आपल्यो प्रवेशिका संचालक, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, **३** रो माळो, उद्देग भवन, पणजी गोंय हांगा **२४** ऑगस्ट **२०१९** पयली पावता तशो धाडच्यो.

चड म्हायती खातीर **९८६०८९८००१** वा **९९२३२६९८७८** ह्या मोबायल नंबराचेर संपर्क करचो.

मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/२०१९/५१८

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA